# स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्याची राष्ट्रीय तिरंग्याक मानवंदना

ता. 15 ऑगस्ट 2017

24 श्रावण 1939

पणजे पोरण्या सचिवालयामूखार आयज जाल्ल्या भारत स्वातंत्र्याचा 70 व्या वर्धापन दिस सुवाळ्यात मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी राष्ट्रीय तिरंगो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. पर्रीकर हांणी गोंय हे नितळ आनी सोबीत राज्य करपाच्या उद्देशान सरकारान ''स्वच्छ भारत, नितळ गोंय'' अभियान नेटान चालीक लायिल्ले आसून ते खातीर लोकांमदी जाग्रुताय करपाचेरय भर दिल्लो आसा. कोयराच्या घाणीक लागून सगळ्या मळावयल्या उदरगतीचेर वायट परीणाम जाता ते खातीर कोयराचे वेवस्थापन ही गंभीर समस्या आसा. गोंय राज्य 2020 मेरेन कोयरमूक्त करपाखातीर सरकारचे प्रयत्न चालू आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

गोंयात रोजगाराचो प्रस्न आसा, पूण त्याबरोबर कश्टाच्या कामाकय प्रतिश्ठेची भावना आसपाक जाय. राज्यात घुवळी वखदांची गंभीर समस्या आसा आनी घुवळी वखदांचो वेव्हार करप्यांचेर कडक कारवाय करपाक पावला उखलपाचो आदेश पुलीस यंत्रणेक दिल्लो आसा. तरणाट्याक वायट वेसना आनी सवयी लागच्यो न्हय म्हुण तांका योग्य शिक्षण आनी मार्गदर्शनाची गरज आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

आमच्या फुडाऱ्यांनी आनी सुटके झुजाऱ्यांनी व्हडा कश्टांनी मेळयिल्ल्या स्वातंत्र्याचो सगळ्या लोकांक फायदो जावपाक जाय तेखातीर लोकांनी शिक्षण, भलायकी आनी हेर उदरगतीखातीर सहकार्य करचे, अशें मुख्यमंत्र्यान मागले.

स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्याक मंत्रीमंडळातले वांगडी, विरोधी नेते श्री. चंद्रकांत कवळेकर, आमदार, ॲडव्होकेट जनरल श्री. दत्तप्रसाद लवंदे, सरकारी सचिव, अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक नागरीक आनी विद्यार्थ्यी उपस्थीत आशिल्ले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तूकी उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिक्षक श्री. उमेश गावकर, श्री. बॉस्को जॉर्ज, श्री. विश्राम बोरकर, उपअधिक्षक श्री. महेश गावकर, श्रीमती सुनिता सावंत आनी श्रीमती तेरेझीना डिसौझा हांका राष्ट्रपती पुलीस पदक भेटयले.

मुख्यमंत्र्याक सुवाळ्याच्या थळार वीजमंत्री श्री. पांडुरंग मडकईकर, मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा, पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर हांणी येवकार दिलो.

पुलीस निरीक्षक श्री. सुदेश वेळीप हांणी संचलनाचे नेतृत्व केले.

डॉ. दयानंद राव हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. बाल भवनच्या भुरग्यांनी राष्ट्रगीत म्हटले.